मनस्वर
गोविंद नारायण मोपकार

मनस्वर

(कविता संग्रह)

गोविंद नारायण मोपकार

मेघर्ष प्रकाशन
गिरी, बार्देस – गोंय.

मनस्वर	MANASWAR
(कविता संग्रह)	(Collection of Poetry)
गोविंद नारायण मोपकार	Govind Narayan Mopkar

© गोविंद नारायण मोपकार	© Govind N. Mopkar

प्रकाशक :	Publisher :
मेघर्ष प्रकाशन	Megharsh Prakashan,
गोविंद नारायण मोपकार	Govind Narayan Mopkar
गिरी, बार्देस – गोंय.	Guirim, Bardez - Goa.
8550909847	8550909847
पयली उजवाडावणी :	First Edition :
16 जुलै, 2020	16 July, 2020
मांडावळ :	Layout :
सानवी प्रकाशन,	Sanvi Prakashan,
कवळें, फोंडें – गोंय.	Kavlem, Ponda - Goa.
7887308776	7887308776
छापणावळ :	Printing :
बांदेकार ऑफसेट, कुडचडें	Bandekar Offset, Curchorem.
मुखपृश्ठ :	Cover Page :
गोविंद मोपकार	Govind Mopkar

मोल : ₹ 120/-

ISBN_978-93-5408-287-0

9 789354 082870

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीचे 'पयलो चंवर' हे येवजणे खाला छापलां.

जार्णे उजवाडाच्या दारा दिकेन
म्हजीं पावलां वळयल्यांत
त्या म्हजे जिर्णेतल्या प्रत्येक गुरुक
आदरान

मनांतले स्वर पानार हाडटना...

पयल्या कविता झेल्या खातीर मनोगत बरोवंक पेन हातांत घेतिल्ले फावट भंय सो दिसतालो. खंयची गजाल खंय मांडची हें खबर आसुनूय खबर नाशिल्ले वरी अवतिकाय जावची. होच भंय मनांत चेपीत एक दीस हांवें मनोगत बरोवपाच्या प्रवासाक सुरवात केली. चितलें, जें स्टेशन येतलें त्या त्या स्टेशनाचो उल्लेख करतलों. मर्दी चुकलों–माकलों जाल्यार तुमीय म्हजींच आनी हांवूय तुमचोच! समजून घेतलीं.

कवितेच्या मळ्यांत वाडचे आदींय हे मळे कितलो तेप तरी म्हज्या मनांत किल्लताले काय? असो प्रस्न केन्ना केन्ना म्हजो म्हाकाच पडटा. इश्टांचीं बारां मारूंक जुळयल्ली ती शब्द रचना म्हळ्यार कविता काय?काय घरच्यांचीं फकांडां मारपाक हांवें गुंथिल्लीं उतरां? तेन्ना मनांतलें पानार ओतूंक समजूच नाशिल्ली. आनी ओतलें जाल्यारूय तीं पानां पुंजावन दवरपाक अक्कल नाशिल्ली. घडये म्हज्यांतल्या काव्याक तेन्नाच कोंबरी फुट्टाली.

अशें म्हणटात, "मुखा वयली वाट जर माड्डिल्ली आसत जाल्यार उपरांत चलतल्याक वाट सोदून भायर सरप सोपें जाता." त्या मतान म्हज्या मुखा वयली वाट बरीच 'क्लियर' आशिल्ली ती म्हजें ताई नम्रता मोपकार हाका लागून. ताचे लेख, कविता म्हज्या मनाचेर छाप सोडूंक लागल्यो आनी केन्ना हांवें म्हाका साहित्याचे सुवादीन केलो कळ्ळेंच ना. साहित्याच्या मळार जायते जाण अजुनूय म्हाका 'इन्स्पायर' करीत आसात. पूण सुरवेक ताई बरोबर कोणें म्हजे भितर साहित्या विशीं कळाशी वाडयली जाल्यार ती डॉ. राजय पवार हांच्या 'गिरमीट' ह्या पुस्तकान. तेन्नाच्यान राजय सर म्हजे आदर्श!

शाळेंत आसतना बरयल्ल्यो म्हज्यो कविता साद्यो–सरळ. पूण झेवियर्सांत शिकतना म्हज्या काव्यांत एक वेगळेंच वळण आयलें. कविता

परिपक्व जाल्ल्याचो भास म्हाकाय जावंक लागलो आनी हातूंत प्रा. सिध्दी गांवस हांचो शिंवाचो वांटो आसा. कवितेच्या मळार चलतना प्रा. धर्मा चोडणकार, प्रा. सिल्वेस्टर वाज आनी हेर शिक्षकांनी म्हजे कवितेक दाद दिल्या. समिक्षणात्मक नदरेंतल्यान तिची तपासणी करून म्हज्यांतलें कसब जगा–लोकाक दाखोवपाक म्हजो आत्मविश्वास वाडयला. जांणी म्हजे कविते सयत म्हाका आपणायला, म्हजी व्हडवीक गायल्या तांची सगळ्यांची मोगाळ याद.

गोवा कोंकणी अकादेमीन कोंकणीच्या मोगान उबारून आयिल्ल्या कळ्यांक सदांच फुलपाक आदार दिला. म्हजें हें पयलेंच पुस्तक, अकादेमीचे 'पयलो चंवर' हे येवजणे खाला उजवाडाक हाडटना म्हाका सुमारा भायली खोस! तशेंच, अकादेमीन नेमून दिल्ल्या मार्गदर्शकांचो उल्लेख केलो ना जाल्यार म्हजें पिशेपणूच म्हणपाचें. डॉ. हनुमंत चोपडेकार आनी प्रा. अंजू साखरदांडे हांचे लक्तुबायेचे तपासणेंतल्यान चुकी सुदारून घेवप ह्या प्रवासांतलो तितलोंच मजेशीर पूण शिकवण दिवपी अणभव आशिल्लो.

प्रस्तावना बरोवचे खातीर हांवें दोगांच जाणांक 'कन्सिडर' केल्ले. डॉ. राजय पवार वा डॉ. हनुमंत चोपडेकार. आनी मनांतलें हेय स्वर पानार आयले. म्हाका प्रेरीत करपी पयलें लेखक, डॉ. राजय हांणी म्हज्या पयल्या कविता झेल्याची प्रस्तावना बरोवन 'मनस्वर' ह्या नांवान ताचो बारसो करप म्हणल्यार सपनफुलां फुलप. पुस्तक छापून तुमचे म्हन्यांत दवरपी, सानवी प्रकाशनाचे धनी, प्रा. सुशांत नायक हांचे कडेन आयिल्लो संबंद तितलोच सुखदिणो. सगळो भार आपल्याचेर घेवन तांणी म्हाका हुसक्या मेकळो दवरिल्लो. तशेंच प्रा. काश्मिरी पावसकार आनी हेरंब सुंखठणकार हांचो सल्लो खूब उपेगी थारलो.

म्हजो कविता झेलो कसो आसतलो हे अनुपचारीक रितीन म्हज्या कवितांचें संकलन करून म्हज्या 21साव्या जल्म दिसा दिसाक भेट दिवंपी रुफिला! कविता जरी म्हज्यो आसल्यो तरीय हें पुस्तक जायत्या जाणांचें. खास करून म्हज्या घरच्यांचें, लागच्यांचें.. "मा–पापाक लागुनूच हांव"

इतलेंच हांव म्हणन. तशेंच, ताई बरोबर माई आनी अक्का (श्वेता आनी सुश्मिता) हीं म्हजीं भयणुलां, म्हजे जिणेंतले गडगंज खांबे. आनी चवथो खांबो भाई (जितेंद्र सावंत), म्हज्या घरचीं आनी लागचीं म्हाका व्हड जावंक मदत करतात हाचे परस दुसरें सूख खंयचें?

कवी म्हूण नांव कमयतना, प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्ष रुपांत जाणें जाणें म्हजेर आप–आपले परीन संस्कार केल्यात, तांच्या सगळ्यांच्या उपकारांत रावपाक म्हाका भोव आवडटलें. निमणे कडेन, "तुज्या कवितांचें पुस्तक केन्ना येतलें?" अशें विचारून विचारून थकपी म्हज्या इश्ट– इश्टिणींची आनी हेर ब–या मागप्यांची याद खोल काळजांत रिगिल्ली आसतना म्हजे खोशयेक आयज समाधानाचो ओंतो येता. "हांवें परिपक्व कविता रचल्यात म्हणपाचें जेन्ना म्हज्यांतलो समिक्षक सांगतलो, तेन्ना काडुया पुस्तक." ही जाप दीत दीत आयज हांव स्वताच्यो कविता समजून, कवनां करून, मनांतले विचार मांडून व्हडा उमेदीन हें पुस्तक तुमकां भेटयतां.

तुमी ते वाचचें, समजुचें आनी आपलें करून घेवचें.

मोगान,

गोविंद मोपकार

***

आशादायी आनी आकर्शक उतरांविश्कार...

शिक्षणाच्या मळार वावुरतना जायते विद्यार्थी वेगवेगळ्या कारणांक लागून यादींत उरतात. ते म्हजेच संस्थेंतले आसतात अशेंय ना. असोच एका दुसरे संस्थेंतल्या विद्यार्थ्याक मेळपाचो योग आयलो. एके कोंकणी स्कॉलरशिपी खातीर ताची मुलाखत घेतालों. त्या विद्यार्थ्याचें भाशीक गिन्यान तपासतना ताचें भासविज्ञानाचें गिन्यान हेर विद्यार्थ्यां परस खुबूच बरें आशिल्लें. "मुखार कितें करतलो?" ह्या प्रस्नाक ताची जाप आशिल्ली, "पुण्यां वचून भासविज्ञानाची पदवी घेतलों." आयज तोच विद्यार्थी पुण्यां वचून भासविज्ञान शिकता ही कोंकणी भाशे खातीर बरी गजाल. फकत भाशीकच योगदान न्हय तर साहित्यीक योगदानूय दिवपाची तयारी दिसता. तोच हो गुणी विद्यार्थी – गोविंद मोपकार. काव्य संग्रहाच्या रुपांत तो कोंकणी साहित्यांत आपलें योगदान दिवपाक तयार जाला. 'मनस्वर' हो ताचो पयलो वयलो कविता संग्रह. ह्या कविता संग्रहा कडेन चिकित्सक नदरेन पळयतना "विद्यार्थी दशेंतलो पयलो संग्रह" म्हण मतींत दवरप गरजेचें.

गोविंदान जेन्ना प्रस्तानवे खातीर फोन केलो, तेन्ना ताची 'भासविज्ञानाक' धरून जाल्ली वळख मनांत घर करून आशिल्ली. देखून सोमतोच हयकार दिलो. संग्रहांतल्यो चडावत कविता गोविंदाचे पिरायेक धरून 'मोग' ह्या विशयाचेरूच आदारिल्ल्यो आसात. ह्या मोगाच्यो साबार तरा आनी विवीध रुपां ताच्या संग्रहांत पळोवंक मेळटात. मोगाचें वारें आनी वाऱ्याचो मोग स्पश्ट करपी प्रतिमा ताचे 'वेंग' कवितेंत बरे तरेन देंवल्या. तो म्हणटा,

"तुजो स्पर्श जाय
पुराय तनाक
तुजी वलसाण जाय
वेंग जाय

ह्या मोगाच्या वाऱ्याक ताचें मन आनी तन आशेल्यांत. ताच्या येण्या कडेन तो नदर लावन बसता... मागीलदार आसूं वा फुडलें दार आसूं, तो ताका 'यो' म्हण पराथता... आनी सांगता,

'... नळ्यांतल्यान वाट काडीत
पोरसांतलीं फुलां झडयत....'
'... सळसळत यो
लिपचोरयां यो
अकस्मात यो
आनी म्हाका घट्ट वेंग मार...'

प्रतीक आनी प्रतिमांचो अदीक खोलायेन अभ्यास केल्यार गोविंदाच्या कवितांक आकर्शक आनी वेगळें वळण लागूं येता. गोविंदा कडेन प्रतिमात्मक नदर आसाच, पूण हाचे मुखार ताणें काव्यालंकाराच्या अभ्यासाची जोड लावन घेतल्यार ताची कविता सर्वांगान मुखार पावतली हातूंत इल्लोय दुबाव ना. ताचे कडेन प्रतिकात्मक नदर आशिल्ल्याची सुंदर देख म्हणल्यार ताची 'धर्तरी उलयतना...' ही कविता. 'धरणी–माता' ह्या उतराक योग्य न्याय दितना 'धर्तरी' आनी 'आवय' ह्यो प्रतिमा ताचे भितरली प्रतिभा आनी कल्पना शक्त हांची वळख घडयतात. ताच्या संग्रहांतली एक उत्कृश्ट कविता. हे कवितेंतल्यान गोविंदाची काव्य प्रतिभा जाणवता. सुवार्थीपणान मनशान धर्तरेचो केल्लो इबाड आनी फुडारांत येवपी संकटाची सुलूस ताचे कवितेंतल्यान भावतनाच, भुरग्यान दिल्ल्या त्रासाक लागून आवयची जाल्ली विपश्टा काळजाक पीळ घालता. निमाणे कडेन धमकीवजा दिल्ली सुचोवणी वाचप्यांकूय विचार करपाक लायता. कवी म्हणटा,

'... एक दीस हांव तुका
रडयले बगर रावचीं ना
इतली रडयतलीं,
इतली रडयतलीं,

एक दीस ह्याच तुज्या
दुकांचें धरण जातलें...'

गोविंदान 'दुकांचें धरण जातलें' हे प्रतिकात्मक मांडावळींतल्यान आपले काव्यात्म शैलींतली प्रगल्भताय दाखोवन दिल्या. हेच कवितेंतली हाल–विपश्टा सोंसपी धर्तरी (आवय) सोसूंक जायना तेन्ना म्हणटा, 'आदीं तुज्या दोळ्यांत बोटां रोमतां आनी मागीर तूं दोळ्यांतल्यान दुकां काडिनासतना दाखय' हे कवितेंतल्यान आवयची वेदना मांडटना धर्तरेची प्रतिमा मनाक भावता. गोंविदान कवी म्हण मुखार वतना हे कवितेंतल्यानूच स्फुर्त घेवची.

कांय कविता उखलाप्यो जाल्यात इतलें खरें. कांय कविता विद्यार्थी दशेंतल्या मोगाचेर बरयिल्ल्यो आशिल्ल्यान 'हेर कडेन वाचिल्ल्योच भावना' तातूंत वाचपाक मेळटात. पूण कांय कविता पुरायपणान वयल्या दर्ज्याच्यो जाल्यात. ताची एक जबरदस्त बिनशिर्शकी कविता आसा.

"पावस बदल्लो
काळ बदल्लो
च्या बदल्ली
च्याचें उदकूय बदल्लें
पूण
तो पेलो मात तस्सो उरलो
कळमेल्लो!"

गोविंदान हे कवितेंतल्यान कवी म्हण आपली वळख अधोरेखीत केल्या अशें म्हणपाक हरकत ना. जातीभेदाक लागून तुटिल्ल्या मोगाचेर भाश्य करतना ताचे 'याद' कवितेचो शेवट खुबूच आकर्शक आनी ओडलायणो जाला. तरणे पिरायेर मोगा–भावनेच्या वादळान तांकां लागीं हाडलीं... कितलीशीं वर्सां तीं वांगडा भोंवलीं, एकामेकाक जीव सोडलो. पूण जेन्ना 'जाती'चो प्रस्न मुखार आयलो तेन्ना मात तिणे सांगात सोडलो.

हातूंतल्यान निर्माण जाल्लें विचारांचें वादळ मुखार दिसता तेन्ना कवी म्हणटा,

"तें वादळ
आमकां लागीं हाडून गेल्लें
पूण...
हें वादळ मात
आमकां पयस व्हरतलें
खूब पयस..."

पयसावणेंतल्यान आयिल्लें हें दुख्ख जेन्ना त्रास करता तेन्ना कवी हाचेर स्वता थातारत एक वेगळोच उपाय काडटा. तो आनी तें दोगांय परतून मेळटात, उतर दितात, सपनां रंगयतात, एकामेकाचो स्पर्श अणभवतात... शेवटाक कवी म्हणटा,

"तें म्हळ्यार हांव
हांव म्हळ्यार तें
हें पटयत,
म्हज्याच मनांत
परती भेट दिली
खूब दिसांनी"

तुटिल्ल्या मोगाचेर, 'सपनरंजन' हो कवीन काडिल्लो उपाय काय नाउपाय, हें थरयतना ताच्यो मोगाचेर आदारिल्ल्यो हेर कविता वाचप गरजेचें. 'मोग' ह्या एकाच विशयाक धरून जायत्यो कविता आसल्यो तरी तातूंत 'तेंच तेंचपण' जाणवना हें नोंद घेवपा सारकें. अशेच तरेन तृप्तीच्या खिणांची वाट पळयतना कवी म्हणटा,

"तूं हरंधरीचो काय
शिरंतराचो
हांव नकळं...
जावं कितेंय जावं कसोय

तूं एक म्हजेर'

जाल्यार होच कवी मोक्षप्राप्तीचो वा निमणे तृप्तीचो हेत मनांत तिच्या उल्याची वाट पळयता. ही खर इत्सा ताच्या रगतांत भरसल्या देखून तो म्हणटा,

"शिरंतरांनी व्हांवपी रगत माये
तुज्याच पांयां दिकेन धांवता
दिश्टाव्याची भेट घेवंक माये
हांव तुज्याच उल्याक रावता...'

गोविंदाचेर कवी मनोहरराय सरदेसाय हांचे अल्पाक्षरी कवितेचो प्रभाव पडला आसूं येता. ताच्यो कांय रचना बऱ्यो उतरल्यात. मोगांत आयिल्लें अपयेस आनी मोगांतलें अल्पसूख एकेच रचनेंतल्यान खूब प्रभावीपणान मांडटना तो म्हणटा,

"दवा थेंब जसो
आळवा पानार
आवाज तुजो तसो
म्हज्या कानार...'

मोगाचीं वेगवेगळीं रुपां मांडटनाच मोगांतलो शिरंगार लेगीत तो मेजक्याच उतरांनी आनी प्रभावीपणान मांडटा. प्रतिकात्मक आनी नाद अणकारी उतरांचो नेमको वापर ताचे कडल्यान जातना दिश्टी पडटा.

"तुवें चिप्प भिजप
पूण पीळ
म्हज्या काळजाक...
वलसाण तुज्या आंगाक
आनी थरथर
म्हज्या वांट्याक...'

विद्यार्थी दशेंतल्यो कविता आसून लेगीत उतरांची मांडावळ करतना गोविंदान आपली 'मॅच्युरिटी' दाखयल्या. मात कांय कविता

उखलाप्यो व म्हणुंया 'प्रिमॅच्युअर' उरल्यात. हे पिरायेर कविता संग्रह उजवाडायतना संग्रहांत अश्यो रचना आसप म्हणल्यार 'दोश' न्हय. उरफाटें, मुखारलो संग्रह येतलो तेन्ना 'तुळात्मक' नदरेन कवी म्हण जाल्ली ताची वाड नदरेंत सहजपणान भरतली. गोविंदान हेर कोंकणी कवितांचें अभ्यासपूर्ण वाचन करत आनी भारतीय भासांतल्यो उत्कृश्ट कविता वाचत जाल्यार ताका आपले भितरले प्रतिभेक बरे तरेचें साहित्य–सारें घालपाक मेळटलें. गोविंदाच्या ह्या पयल्याच पूण 'आशादायी' आनी 'आकर्शक' उतराविश्काराक येस आवंडेतां. गोविंदान अभ्यासू वृत्तीन आपली काव्य प्रतिभा केळयत जाल्यार कोंकणी कवितेच्या मळार तो निश्चीतपणान आपलें नांव अधोरेखीत करतलो हातूंत दुबाव ना.

बोरी, मार्च 2020 **डॉ. राजय पवार**

***

मांडावळ

1. सपनां 15
2. दोन पावलां... 16
3. मोग–पिसो 17
4. ती 18
5. एक मुक्त किरण 20
6. हांव मोगी 21
7. मावोडेचो पावस 22
8. व्यंगात्मक काव्य 23
9. वाटचाल 24
10. फोटू 26
11. चिमटीभर 27
12. यो गो, यो 28
13. मौन 29
14. तुमच्या मतांचे तुमी 30
15. आपलेपण 33
16. च्या V/S बायल 34
17. नशिबाच्या देवा 35
18. इत्सा 36
19. वेंग 37
20. धर्तरी उलयतना 38
21. पयशिल्ल्या मोडार 40
22. मॅचींग भावना 41
23. पयली भेट 42
24. बदल 43
25. याद 44
26. मोग 46
27. काळ 47
28. म्हज्यो त्यो इत्सा 48
29. काका 49
30. खूब दिसांनी 50
31. एक्स्टर्नल अफेयर 51
32. दुराय 52
33. किनन्यो 53
34. कवी 56
35. जाप 57
36. सर्गाची सैर 58
37. अभिनंदन 60
38. तूं 61
39. माती 62
40. मोग तुजो 64
41. एक फावट 65
42. सांगचें कितें गोंयचें 66
43. सुतक 68
44. बाकी 69
45. मोगा यादी 70
46. वलसाण 71
47. पावसा यो रे 72
48. तनरी 73
40. लयराई आई 74
50. वांटो 75

51. सायलन्स प्लीज 76
52. मोगा रुखाची तेंगशी 77
53. पाळां 78
54. नव्या वर्सा सावन 79
55. येवकार गीत 80
56. यादी 81
57. गोंयकार 82
58. तूं गेल्ल्याक 83
59. हांवें फक्त मोग केलो 84
60. तूं... म्हजे खातीर 85
61. उलो 86
62. मळबा पेल्यान 87
63. ग्रॅण्ड मदर्स डे 88
64. नसाय 89
65. सपन 90
66. तो 92
67. वारो 93
68. म्हजें–तुजें 94
69. तुवें 95
70. चार वळी 96
71. नरकासूर 97
72. मंत्र 98
73. यादी 101
74. नातें 102
75. वेदना 103
76. हुस्को 104
77. गीत 105
78. नकळत 106
79. माळी 107
80. पाशाणी पौरुश 108
81. नियाळ 109
82. हट्ट 110
83. अठरा जून 111
84. रात 112
85. अमुरपिकी 113
86. सात पावलां फुडें म्हज्या 114
87. तुज्या मोगान 115
88. उतर 116
89. परी 117
90. म्हाका असो गांव जाय 118
91. आमचो मोग 119
92. केन्ना तरी 120
93. यादी 121
94. तूं 122
95. म्हाका देशाचें फीत 123

***

सपनां

सपनां म्हजीं गायतात अशीं
तुज्याच मोगान पिशीं

आमुल्ले वयले चानये वरी
खेळटात भर आमोरी
सपनां म्हजीं गायतात अशीं
तुज्याच मोगान पिशीं

कितलेच सारले भर पावसाळे
गिमांत वले दोळे
सपनांची सावळी दुकांची पावळी
जीण म्हजी काळी काळी
सपनां म्हजीं गायतात अशीं
तुज्याच मोगान पिशीं

वाळयेंतलें थींक तुजेंच रूप गो
हांशें वझरे झरे
ओंठां वयल्या उतरांक धोलयत
सळसळ सुटलां वारें
सपनां म्हजीं गायतात अशीं
तुज्याच मोगान पिशीं

* * *

दोन पावलां...

रेंवेंतुल्या रेंवे राशींत
तुजीं दोन पावलां
म्हाका अचळय याद आयलीं

चिखलांत रोमिल्लीं
तुजीं दोन पावलां
अचळय म्हजे नदरेक आयलीं

नर्काचे वाटेन चलपी
तुजीं दोन पावलां
म्हजें काळीज पिळूंक लागलीं

म्हज्या पावलां बरोबर चलिल्लीं
तुजीं दोन पावलां
काळजांत घर करून रावलीं

***

मोग–पिसो

तुजो

म्हजे वयलो मोग
फक्त कांय खिणांचो,
सांग मोगा
तुजे बगर कसो गो घेवं
आस्वाद मोगाचो?

***

ती

'ती' खड्डी जाल्या...
तिच्या माथ्यार एक केंस ना
तिका तें मातूय आवडना
पूण तरी लेगीत,
'ती' कांयच करूंक शकली ना

तिका,
आपल्या केंसांचो आंबाडो घालपाक
भोव आवडटालो
मोगऱ्यांची आटी
आबोलेचो झेलो
सदांच तिच्या आंबाड्याक आसतालो
पूण आतां...
'ती' एक फूल लेगीत
माळूंक शकना...

तिका
पाचवी साडी आवडटाली
अजूनय आवडटा
आनी 'ती' म्हणटा,
"मरतकच म्हाका
पाचवीच साडी न्हेसयात."
हांव सवायशिणूच मरतलीं..."

तिका
आपल्या मरणाची
मातूय भिरांत ना...
पूण एक मात
आतां मात्सो–मात्सो तिचो रंग
फिको पडपाक लागला

'ती' सावळी जायत गेल्या...
तिका पळेल्यार
'ती' धडधाकट आशिल्लेवरी दिसता
पूण खरें म्हळ्यार
'ती' विकारयुक्त झुजामळार झुजता
'ती' म्हणटा,
"हांवें जगपाची आशा सोडल्या,
जगप न्हय"

आनी
मरणाच्या हुंबऱ्यार रावुनूय
'ती' धादोसकायेन आपली जीण जगता
फक्त... तांचे खातीर!
तांच्या सुखदिण्या यादींचेर
'ती' अजूनय जगता...

✵✵✵

एक मुक्त किरण

काळ्या किट्ट कुपांनी
आडावन उरिल्लें
तूं!
तुवें पळयल्यात
हाल विपश्टा
दळिद्र
अन्याय
आनी अत्याचार.
कात सोलतना
रगत व्हांवतना
घाय जळटना
तुवें पळयल्यात.
आनी अकस्मात
हीं काळीं किट्ट
कुपां चिरून
फांकारपी तूं
एक मुक्त किरण

***

हांव मोगी

हांव मोगी, तूं मोगिका
म्हज्या जिणेच्या पिसोळ्या
केन्ना गो बरोवया
आमची नवलिका?

***

मावोडेचो पावस

मावोडेचो पावस सारको धळमळीत
पयल्याच दिसा, पयलेच खेपेक
पयलीच दडक म्हजेर कोसळ्ळी
आनी हांव थरथरून गेलों

दिसलें,
आतां म्हजें कांय खरें ना
कितलीं वादळमोडां येवचीं आसात
सांगपी वारेंय ना
पूण मावोडेचो पावस सारको धळमळीत

दुसरी दडक शिरशिरली
आनी हांवूय मात्सो स्थीर जालों
पूण इतल्यांत कसो थांबत
हो पावसूच धळमळीत
मात्सो पिसो, मात्सो शाणो
लग्न जावन बरोच कोसळ्ळो

***

व्यंगात्मक काव्य

बेश्टोच म्हणटा,
जांच्या बापायन तेन्ना
नोव्हेंबरानय खाड दवरूंक ना
ते 'मॅन' नाशिल्ले कांय?

***

वाटचाल

परतें महाभारत घडोवं नाका
द्रोणाचार्या,
हांव एकलव्य न्हय
तुज्या स्वार्थी विचारां मुखार नमचों ना
उर्मटपणान बाण चलयतलों

याद कर,
कौरवांच्या फुटक्या दोळ्यांक लागूनच
ते मातयेभरवण जाल्ले
आतां हांवूय अर्जून जावंक
फाटीं फुडें सरचों ना

म्हज्या शिक्षणाची वाटचाल
तूं आडावंक शकना
तुजे सारकिल्ल्या
काळ्या माजराक हांव भिना
हांवें वागा बरोबर दीस काडल्यात

"कापास्ताद तरी पळयात हाची"
अशें तुमचें मत कित्याक?
म्हाका तकली ना?
अशें दिसता जाल्यार
तुमच्याच मेंदवाक बुराक पडल्यात .

म्हाका म्हज्या तोंडाची
वाफ घालोवपाची ना
तुजोच मेंदू, तुजीच तकली
पूण हांव तुजो न्हय
म्हजें शिकपाचें सामर्थ्य जोखूंक
हांवें तुज्या माथ्यार दिवंक ना
तूं तुजें पळय

इतलीं वर्सां म्हज्या पुर्वजांक
तलवारीची धार दाखोवन
फक्त तुवेंच घेतिल्लें शिक्षण
तुवें खंयचें वादळ परतुपाक वापरलें?
फक्त जाती भेद केले
मनशां मदीं आनी मनीसपणा मदीं

आतां पुर्वज गेले
हांव आयलां
सामर्थ्य पळोवपाची
कापास्ताद आसा?
जाल्यार म्हजी वाट मेकळी कर
ना जाल्यार म्हज्यान तुका
गुड्डायत वचूं येतां

हय!
अस्पृश्याच्या कुळांतलें कूस हें
तुका आव्हान दिता

***

फोटू

हांव तुका पळेतां
तूं म्हाका पळेता
फरक इतलोच
आमचे मदीं
जमीन मळबाचें
अंतर आसा

काल काडिल्ले फोटू
आतां फकत
यादस्तीक जाल्यात
म्हूण
तूं दुकां गळयता
आनी हांव?
हांव फकत तुकाच पळयतां

काल फोटू काडटना
तुवेंच म्हाका हांसयल्लो
आज मळबांत जोगूल पेट्टा
तें पळोवन भावा तूं हांस
आतां हांव तुजो फोटू काडटां

***

चिमटीभर

कोडू कोडू कोडू
पेल्यांत, ताटांत
सगळेंच कोडू
चिमटीभर साखरेक
मरणभर मोटे दोळे
वांट्याक येत रावले
खूब जाणांक सांगलें
आयकलें, सोडलें
आयज तोंडभर साखर
प्रत्येकाची चिमटीभर

***

यो गो, यो

यो गो, यो, वेंगेंत म्हजे यो
हांसत नाचत गायत
वेगीं वेगीं यो
काय बरें खेंळणें तुका
हाडलां पळय गो

यो गो, यो, वेंगेंत म्हजे यो
आज तुजो वाडदीस
वेगीं वेगीं यो
व्हडल्या मामाचे धाकटे भाचये
म्हजे कडेन यो

यो गो, यो, वेंगेंत म्हजे यो
हांसत–नाचत–गायत
वेगीं वेगीं यो
खेळणें तुजें आवडटें
'डॉरेमॉन' गो...

***

मौन

किर्ते आसा?
सगळें सांग
अशें मौन रावूं नाका
हांव तुज्यो भावना
समजूंक चुकतलों
भलतेच तर्क लायतलों
तुजे कडल्यान पयस पावतलों
शेणटलों, घुस्मट्टलों
अजून किर्ते आसा जाल्यार सांग
अशें मौन रावूं नाका

***

तुमच्या मतांचे तुमी

एका चल्या बरोबर
रातचें अशें एकलें भोंवप
तुका सोबना
तुजी चलयेची जात
तुंवेन तुजी मर्यादा हुपूंक फावना
अशें तांचें म्हणणें

गाडयेर, चल्याच्या खांदार
हात दवरून बसप
तुका सोबना
तुज्या ह्या करामतींक लागून
तुज्या आवय बापायक
मान सकयल घालची पडटा
अशें तांचें म्हणणें

रातदीस अशें चल्यां बरोबर
हेडटा तें चली
धुल्ल्या घडयेचें कशें उरत?
अशें तांचें म्हणणें

तुवें अशें मिरोवपांत
वेळ व्हगडायनासतना
रांदूक, विणूंक शिकल्यार
कल्याण जातलें...
तुज्या ह्या हेडगेपणान
तूं फाटल्या जोताक
कसली म्हूण देख दितलें?
अशें तांचें म्हणणें

एक चलो आनी चली
फक्त इश्ट उरूंक शकनात
तूं फसतलें
वासनेचे भकीक पडटलें
ते तुका नाचोवन सोडटले
तूं संवसारा भायरें जातलें
अशें तांचें म्हणणें

लग्न जातलें जाल्यार
पयलीं रितीन रावूंक जाय
तुजे सारकिलें नाचरें
कोणाकच आवडचें ना
स्वताक बदल मात्शें
नाजाल्यार, तूं
आंकवारूच मरतलें
अशें तांचें म्हणणें

–

हांव अजूनय त्या चल्यां बरोबर
इश्टागत धरून आसां
तांचे बरोबर भोंवतां
खांदार हात दवरून बसतां
राग, मोग, हांसप, रडप
नसाय, तिटकारो
तांचे मुखार उक्तायतां
पूण... म्हज्या इश्टांनी
केन्नाच म्हाका
वायट नदरेन पळोवंक ना
म्हज्या इश्टागतीचो फायदो घेवंक ना

म्हजे इश्ट खंयच्याय वेळार
म्हाका फोन करतात
म्हजे गरजेक धांवतात
ताचो अर्थ असो न्हय
हांव तांचे बरोबर न्हिदतां

म्हाका बोट दाखोवप्यांक
हांव मीट घालनां
म्हज्या मेकळेपणाक
पांजऱ्यांत बंदिस्त करूंक
म्हाका दोळे दाखोवप्यांक
हांव नदर चुकयना
म्हाका तांच्या बुरश्या विचारां मुखार
नमपाचें ना
म्हजे मर्यादेचो हुंबरो हांव जाणून आसां
जांकां म्हजी वागणूक आवडना
तांणी आपले कळमेल्ले विचार बदलचे
नाजाल्यार आपल्या दोळ्यार हात दवरचे
म्हाका पडिल्लें ना!

***

आपलेपण

पयशे आसात
काय पाशियेंस आसा?
तांणी विचारलें
अंतर्मन उलयलें,
आपलेपण आसा

* * *

च्या v/s बायल

हरशीं
कोणालेय बायलेचें
घोवाच्या
कामा बरोबर पटना
नाच्च जाल्यार
इश्टां बरोबर जमना

पूण...
म्हजें लवर
पावसाचेर कोत्र
फॉरएवर
कारण म्हाका
च्याचो फिवर

***

नशिबाच्या देवा

नशिबाच्या देवा म्हज्या
देवळांत तूं उबो आसा
शिमेर तूं खेळ खेळयता
सांकवार तूं स्थान मेळयता
ओ नशिबाच्या देवा म्हज्या

खेळटा जाल्यार तूंच खेळ
मनशाक कित्याक खेळयता
तुज्या नांवान म्हाजन
देवळ्यांचें आंग केळयता
तांकां तूं मोन्यांनीच पळयता
ओ नशिबाच्या देवा म्हज्या

आसा तूं जाल्यार यो म्हन्यांत
सगळी हळशीक सोंपय खिणांत
आयक देवा, उलय देवा
कित्याक तूं असो मौन रुपांत?
ओ नशिबाच्या देवा म्हज्या

***

इत्सा

कांय इत्सा म्हज्योय
आसात तुजे खातीर
उकत्या मनान मागिल्ल्यो
मळबांतलो थेंबान थेंब
शिंपयेंतलें मोती जांवचे
म्हूण प्रसाद लायिल्लो

***

वेंग

तुजोच स्पर्श जाय
पुराय तनाक
तुजी वलसाण जाय
वेंग जाय

तुका मेळपाक
तुका भासपाक
तुका तेंकपाक
तुका धरपाक
मन आशेलां, तन आशेलां

यो रे मोगा म्हज्या
मागीलदारांतल्यान
केन्नाय फुडल्या दारांतल्यान
नळ्यांतल्यान वाट काडीत
पोरसांतलीं फुलां झडयत
सांवरे बोंडां उबयत
खेळ खेळयत
पतंग उबयत
कसोय तरी यो

सळसळत यो
लिपचोरयां यो
अकस्मात यो
आनी म्हाका घट्ट वेंग मार
रे वाऱ्या
म्हाका वेंग मार

***

धर्तरी उलयतना..

"यो बस,
सांग कितें जाय?"
अशें म्हणत
हांवें तुका जाय जाय तें दिलें
म्हज्या केंसांची जाल्ली
जटां लेगीत तूं निर्दयी जावन
ओडीत रावलो
तरीय हांव
मुकाट्यांनी उबीं रावलीं
सगळी पिडा सोशीत रावलीं
कांयच उलयनासतना
पूण तूं मात सुदारलो ना
खिणा खिणाक सुवार्थी जायत गेलो
म्हजी कात म्हण नाका,
म्हजो काना पड्डो म्हण नाका,
म्हज्या तळटा वयलो फोड म्हण नाका
तूं कांयच न्हय कसो दुखयत रावलो
म्हजें रगत पियेत रावलो
म्हजी हाल विपश्टा केली
आनी हांव सोंशीत रावलीं

आनीक सोसूंक जायना म्हज्यान
आतां तूं मुखार यो
हांव तुज्या दोळ्यांनी बोटां घालतां
आनी तूं
म्हाका दोळ्यांतल्यान

दुकां काडिनासताना दाखय
तेन्ना मानतां तुका हांव
जमचें ना
म्हजे कडेनूय जमना रे आतां
म्हूण सांगतां,
आतांच शाणो जा
ना जाल्यार...
एक दीस हांव तुका
रडयले बगर रावची ना
इतली रडयतलीं
इतली रडयतलीं
एक दीस ह्याच तुज्या
दुकांचें धरण जातलें!

***

पयशिल्ल्या मोडार

पयशिल्ल्या
मोडार तूं
यादी घेवन
उबें आशिल्लें
खबर ना कितल्यो
पूण म्हजे यादींत
तूंच आशिल्लें

***

मॅचींग भावना

तीं तीन उतरां आयकतांच
तुवें नदर म्हजेर घुवंडायली
ब्लश करत
कनेक्शन त्या उतरांचें
आनी हांवेंय तुजेर
नदर धांवंडायली
तोंडार चैतन्य खेळयत
दोन मनां एक जालीं
आमची नदर कॅच जाली
"शेवपुरी, गोबी मंच्युरीयन"
आयकतांच
भावना सामकी मॅच जाली

* * *

पयली भेट

याद येता
तुजी म्हजी ती पयली भेट
तूं म्हजेंच जातलें
म्हूण हावें मारिल्लो झेत
म्हाका याद जाता

हय याद येता
तुजें तें मुमुरखें हांसप
नदरेक नदर मेळयतना
तांबड्याच गालांनी लजप
म्हाका याद येता

याद येता
म्हाका सोदपी तुजे तानेल्ले दोळे
माने वयल्यान भेंडा मेरेन पावपी
तुजे कें स लांब, काळे
म्हाका याद येता

याद येता
जिणेंत सांगात दिवपी हात तुजे
तुज्या ओंठांतल्यान
भायर सुटपी नांव म्हजें
म्हाका याद येता

***

***

पावस बदल्लो
काळ बदल्लो
च्या बदल्ली
च्याचें उदकूय बदल्लें
पूण...
तो पेलो तस्सो उरलो
कळमेल्लो

***

याद

ना न्ही!
येता
अजूनय येता
फुडेंय येतली
तुजे बरोबर घातिल्लें
प्रत्येक पावल
आतां फुडें वचूंक उखलचें ना
फाटीं सरतलें
परत्या पावलांनी

जात खंय
म्हजे बरोबर भोंवून
म्हज्या हातांनी जेवन खावन
म्हज्या हातांक
घट्ट धरुन
तुका वर्सां जालीं
आनी आतां...
आतां हांव 'जाति भायलो'?

आगो पिश्यां...
सोबना तुका हीं पिशेपणां
हांव आनी सारको पिसोच!
पूण आतां शाणो जालां
तुजे विणें जगप
खुबूच जड दिसतालें
पूण आतां ना

हंय,
तें वादळ
आमकां लागीं हाडून गेल्लें
पूण...
हें वादळ मात
आमकां पयस व्हरतलें
खूब पयस...
पयस...

❋ ❋ ❋

मोग

वारो
पावसा पाणयाक फुलचो
तसोच हांवूय
तुज्या फाटल्यान धांवचों

झाडां आडसाक तो
पावसांत एकरूप जावचो
तसोच हांवूय
तुज्या मोगान विरगळचों

अचळय तो मध्यान रातीक
ताका घट्ट धरपाक येवचो
तसोच हांवूय
तुज्यांत बुडून बुडून पेंवचों

गोंयच्या म्हज्या पावसांत
कोणेंय मोग करूंक शिकचो
ना जाल्यार पुण्यांत येवन
मळबाक दोळे लावन बसचो

* * *

काळ

पयस मळबा कडेन पळयत दोळे
जीण सुक्यार आयल्या म्हूण भिजल्यात
पोटाची फाट जावन, फाटीचें पोट जावन
पोरां उपाशींच शेंदरेर न्हिदल्यांत

तांदूळ गोटो सोंपून आतां
संवसाराच्यो वाद्र्यो जाल्यात
नांगराचे बैल म्हजे
झोळयो दाखयत दुबळे जाल्यात

घरचे नळे पळोवंक गेल्यार
रख्ख वतांत सारके सुकल्यात
चोपडे पानां वयली व्हडींय आतां
वल्लें मारून चोपडेंतूच थकल्यांत

मिर्गार आतां मीर्ग जाल्या
शेतांय आतां वांझ जाल्यांत
दाटचीं कुपां, येवचो भार म्हूण गाराणें घाला
तूं वचून म्हजें जिणें बोंड जालां

वांटकुळो कोंडो भितर भेंड मोडून पडला
आंगणांत मिरोवपी सळयें माळ्यारूच सडलां
बायलेच्या मणयापडीर घर म्हजें जगलां
आनीक कितलीं वर्सां होच काळ मागला?

***

म्हज्यो त्यो इत्सा

म्हज्यो त्यो इत्सा
अजूनय तश्योच आसात
फक्त म्हज्यांत ती
वान्सा उरूंक ना

आत्मसम्मानाचें
व्हडपण सोडून
आसाक–पासाक
धांवप उरूंक ना

वेळाचें भान
तेन्नाय आसलें
आयजूय आसा
फक्त तो वेळ उरूंक ना

तुवें दिल्लें आमंत्रण
आपलें शें उरूंक ना!

***

काका

काका,
तुज्या वचपांत
घरचें बल्कांव
मात्शें रितें दिसता
पूण तूं बशिल्ल्या
यादींतलें बल्कांव मात
अजून रितें जावंक ना
बल्कांवांतली कदेल
आनी कदेलाचेर बसून
भायर नदर लावपी तूं
अजून कोणाक चुकूंक ना

***

खूब दिसांनी

खूब दिसांनी
तें आनी हांव
एका सांगातान
एकमेकाचे वेंगेंत
रंगून खूब उलयलीं

तें उतर
तो हावेस
तीं सपनां
परत रंगयलीं
खूब दिसांनी

खूब दिसांनी
तो तृप्तीचो स्पर्श
वाऱ्यार धोलयत
तुजी म्हजी जीण
असमंतान केळयली

तें म्हळ्यार हांव
हांव म्हळ्यार तें
हें पटयत
म्हज्याच मनान
परती भेट दिली
खूब दिसांनी

***

एक्स्टर्नल अफॅयर

तूं म्हजेर
म्हज्या हड्ड्याक चिपकलां
बिनदास्त!
तेन्ना हीच रात
चंद्र, नखेत्रां
मुमुरख्यांनी हांसतात
कारण...
तुका म्हजें करपाक
ही निमणी रात आसता
आनी हांव
न्हिदिल्ले कडेन फसतां

हरशीं आमचो मोग
एकामेकाचेर बसता
पूण परिक्षेच्या वेळार मात
'एक्स्टर्नल अफॅयर' कसो दिसता
तेन्ना...
कविताच घरची लक्ष्मी जाता
आनी तूं गो पुस्तका
भायलें अपसरण जावन
जीव खाता

***

दुराय

समजतां
हांवूय तुका.
तुका कळचें ना
डिलीट
आनी
बॅकस्पेस
तुजेंच
न्हीं गा
म्हजेंय उतर
खाता
म्हाका

***

किनन्यो

हय! मनीस हांव
संवसाराची अर्दी वळख हांव
पूण लाचार परिस्थितींत
सांपडिल्ली खामसुत्री
तुमी नाचोवचें
हांवें नाचचें
कांयच उलयनासतना
मोन्यांनी

कोण सांगतलो
म्हजी अश्रृत काणी
हांव सांगू?
हय मनीस हांव!

तुमच्या कानाक पचतलें
तेंच सत आयकुपाची
सवंय तुमची
म्हजे सारकिल्ल्यान घेतिल्ल्यो
प्रतिज्ञा लेगीत तुमी
फट थारायतात भित्रे

हांव निलाजरें, बुरशें
हळशीक, अश्लील, अपवित्र
तुमचे खातीर तर हांव
पाताळांत धाडपा
सारकिल्लेंच पात्र

मान मर्यादेच्यो बडायो
तुमी मारल्यो नात
जाल्यारूच योग्य!
तुमच्याच विचारांनी तर
आमकां खुंटायल्यात
संभोगाची बळी चडोवन
काळखे पायणींत
भितर गादयांचेर
आमचें सरण दाळ्ळ्यात

गरिबी पेलूंक शकलें ना
शेणलें, हे हळशीकेंत फसलें
पोट भरपाचे आशेन
वस्त्रां देंवयतात तें सोंशीत रावलें
नाका आसतानाय
स्वताक विकीत रावलें

खूब फावट चिंतलें
तोडच्यो ह्यो बेडयो
आनी पयस धांवचें
हांगच्यान खंय तरी पयस
खूब पयस
आनीक पयस
पूण गरिबी परत परत
अशी हात पिळत
म्हाका थंयच थंयच
ओडीत घेवन आयली

बायक आयज
चवदा वर्सां लागल्यांत
आनी कानांत त्योच
पंदरा वर्सां आदल्यो किंळच्यो
किनऱ्यो घालतात
म्हाका बायचो हुस्को
तेंय बीन हाका बळी...

***

कवी

म्हजे मुखार तीन ऍंगल्स!
कविता करतात
विशय घेवन
हांव चवथें ऍंगल
तांचेर कविता करतां
तांकां खबर ना
म्हजो विशय
घडये तांचोय विशय
नशीब!
म्हजो विशय म्हजोच
ना जाल्यार हांवूय
नांवाचो कवी जावपाचों
पेन आनी पेपर घेवन
फक्त उतरां टिपपाचों!
प्रतिकां, मिथकां, रुपकां
आसून लेगीत
व्याज्योक्तींत फसपाचों

***

जाप

तुजी पुजा करची
म्हूण हांवें
तुज्या मुळसांत
घुमटी बांदली

आयज तुज्या
पाळां– मुळांक लागून
तिका चीर गेल्या

चूक म्हजी
काय तुजी
हांव जाप सोदतां

***

सर्गाची सैर

अनंताचें मळब जंय
रुप्याचें गो चान्नें
दिगंत–दिका रानां वनां
रूप तुजें आबोलें

हड्डें मुखार करतीत जंय
भाटांतुले माड हांगा
पावसा पावळेक लजता पळय
घोडुल्यो गो काजी पोंदा

पाचवेचार ओडून पांगरूण जंय
विसव घेतीत उकतीं शेतां
धरचेल्यांनी खेळटी दर्या ल्हारां
तारयाचीं गा गायत गितां

जिविताची घुंवता राट जंय
कुमाराची वलीं पदां
व्हांवते झरे गायतात पळय
निर्मळतायेचीं धुल्पदां

भांगराळीं गा सांवरे बोंडां जंय
मळबा पेल्यान मारतात झोपय
लोकांची नीज काणी ही आयकय
चानये पील गायता आल्लय

एकूच तनरी फुट्टा जंय
आशावादी मन रडटा व्हय
म्हणटा पळय कशें तुका
सर्गाची सैर कर गा म्हाका
गोंयां तुज्या हुंटयेंत खेळयत
सर्गाची सैर कर गा म्हाका

***

अभिनंदन

कितलें पळय
धाडशी काळीज
भंयान फाटीं
सरलें ना

आसून तांच्या
ताब्यांत लेगीत
लटके अपेस
मानलें ना

शौर्याचें हेंच
गीत तोंडार
आयले बगर
उरलें ना

परतेचे वाटेर
लेगीत भुंयेचें
उतर ताणें
सोडलें ना...

***

तूं

तुजे विणें
फाल्स जिणें
म्हॉव जशें
गोडसाणे विणें

***

माती

म्हजे भुंयेचे तांबडे मातयेचो
म्हाका अभिमान आशिल्लो
फक्त तो मेरेन
जेन्ना इतिहासाचीं पानां
हांवें परतूंक नाशिल्लीं
चाळूंक नाशिल्लीं

आतां हुस्क्यार हुस्को
हेच तांबडे मातयेचो
तातूंत जल्मल्ल्यांचो
जल्मतल्यांचो
कारण...
म्हाका कळून आयलां
हेच भुंयेंत
हेच मातयेंत
तांचें रगत विरगळ्ळां
घळा घळा
तळा तळा
तेन्नाच्यान आयज मेरेन
वलीं आमचीं झुजां मळां

कोण 'तें' कोण जाणा
रंगोवपी ती रणांगणां
रगत जांचें मेळून भुंयेंत
भुंयेर सदांच कणां कणां

युगां यगां सावन हांगां
असुरांचो घात जाला
राक्षसांचो नाश जाला
तरीय लेगीत तांचेंच रगत
भुंयेंत म्हजे मळून गेलां
कलीयुगांतली भूंय म्हजी
पापान तांच्या
तांबडी तांबडी जायत गेल्या

सगळीं हीं आदलीं पानां
महाभारतांतलीं घनां घनां
घडये त्याच बींचें भात जालां
मनीस राक्षस असूर जालां

झुजां तींच, वेगळीं रुपां
बलात्कार, भ्रश्टाचार,
मारामार, हींच भुंयेर चेपां
भोगपाचीं वेगळीं तपां
आतंकवाद बांदता खेपां
सैन्यांची जीण म्हज्या
जाल्या सामकी लपालपा

एकूच हुस्को म्हाका आतां
नवें यूग घडोवचो
रगतांतलो मद हो
आतां कसो जिरोवचो?

***

मोग तुजो

थेंबान थेंब
रकय नाका बाये
मोग तुजो
दिता जाल्यार
घोग्यांनी पावस दी
भियेवं नाका
वचूं व्हांवून
इल्लो इल्लो
त्रास नाका
दिता जाल्यार
एकदम दी!

***

एक फावट

एक फावट...
फक्त एक फावट
सांग म्हाका तूं ...
आयकतां तुजें
तुका जर नाका जाल्यार
आनीक उलय ना गो हांव
पूण एक मात
तुवें म्हाका
"तूं म्हजे कडेन उलय नाका"
अशें मेळिल्ले फावट
म्हणचें पडटलें
फक्त एक फावट

***

सांगचें कितें गोंयचें

सांगचें कितें गोंयचें म्हज्या
प्रस्न म्हजो म्हाकाच पडला
चडून लोकांक वेगळी नशा
गोंयची जाल्या अवदसा
करचें कवन कसलें आतां
हेंच कश्ट माथ्यार म्हज्या

जुवारेचीं पायजणां
मात्शीं आतां काळीं पडल्यांत
मांडवीच्या लखलखाक
मात्शी आतां शेळ चडल्या

भाटाचीं–भाटां गेल्यांत
आतां घाटांची पाळी आयल्या
उदरगतीच्या नांवान गा
गोंय सामकें पावणेर आयलां

शिकिल्ले गा बेकार हांगा
काम करतल्यांक कामां नात
दुसरो पर्याय वेंचात म्हळ्यार
कान तांचे हालनात

गांवचें गांवपण शेणत गेलां
शारीकरण वाडत गेलां
शेजारचें दार बंद जालां
सगळें उलोवप ऑनलायन जालां

आयलां फॉर्मालीन नुस्त्यांत
मनशां भितर मिजासपण
एके वटेन मनीस धोक्यांत
दुसरे वटेन मनीसपण

कश्ट करूंक दिसता हाय
शेतां सोडून सगळे भायर
अस्मिताय गोंयची राखूंक
परते उणे पडटात गोंयकार

पंदरा लाख गोंयकार आमी
अजून कितले मुक्त आसात?
जाप हाची तोंडार ना गा,
चिंतून आमकां सोदची आसा
सांगचे कितें गोंयचे म्हज्या?
प्रस्न म्हजो म्हाकाच पडला

***

सुतक

आमचे
इश्टागतीचें
स्त्राद्ध मनोवप
तुका जमलें ना
तुका तें
सुतकूय दिसलें ना!
हांवूच तो
कावळो
परतों परतों
पिंडाक
चोंच मारतां

***

बाकी

कश्टाच्यो पेटल्यो वाती
जागयत बाब कवळ्यो राती
कवळ्या मनांत रिगलीं थिकां
मुक्तीचीं गायत गितां

शादुरतायेचीं "पांयजणां"
वाजता पळय तनां—मनां
दुख्ख व्यथा गायता "भावीण"
आदराचीय तुजीच "सासाय"

नांव बाकीबाब तांचें
जैताचें ध्येय जांचें
कोंकणी उतर कोंकणी भास
आमचें तुका नमन खास

* * *

मोगा यादी

तुका म्हजें काळीज दुखोवंक दितना
सोंसले घाय कितले काय
तरीय तेच परते दितना
तुजें मन कशें विरगळ्ळें ना काय

आकांताचे हुंवार हांवें
चुकून लेगीत व्हांवूंक दिलें ना
म्हूण काय तुजें मत
तुजें वागप म्हाका दुखयना

आसूं आतां कितेंय जावं
कांयच दाखोवन दिवप ना
कितलेय जर पडूं घाये
तुज्या यादीं बगर जगप ना

***

वलसाण

तुवें चिप्प भिजप
पूण पीळ
म्हज्या काळजाक
वलसाण तुज्या आंगाक
आनी थरथर
म्हज्या वांट्याक

***

पावसा यो रे

पावसा यो रे म्हज्या आंगणांत
सूख रुजूं दी म्हज्या दारांत

पावळेक म्हजे तुजो श्रृंगार
नथीक जसो मोतयांचो भार

भांगराचें पीक तें तुजेंच दान
टपटप आयकूंक आशेल्यात कान

श्रावण बाळा यो रे बेगीन
धर्तरे मायेक लागल्या तान

काजी आयल्या जुवानपणार
घडुल्यांक कसो करूं न्हयकार?

कुकडां माकडां कशें लग्न जातलें
बेबकाचें पोर ते केन्ना न्हातलें?

तुज्या वांगडा भुरगेपणांत
शेतकारां खोशयेन भरतलें शेत

***

तनरी

मोगाक म्हज्या तनरी फुटल्या
तुज्या यादींची
नथींतल्या मोतयांनी उतरां गुंथल्यांत
सपनां रंगोवंक तुजीं–म्हजीं

स्पर्शान तुज्या हातांच्या
आयलें तारुण्य म्हजें रंगार
अप्सरेच्या देहार तुज्या
घायाळ हो दिलदार

हांशें तुज्या तांबड्या पोल्यार
जणू पिसोळेंच फुला फुलार
ओडलायणी नजर तुजी
श्रृंगाराची अमृतधार

***

लयराई आई

आई तुका कितें सांगू
जिणेंत कितलीशींच आडमेळीं
दुख्ख म्हजें पयस करूंक
पुरो तुजी कौल कळी

***

वांटो

ह्या मनाच्यो चुकल्यो वाटो
खंय पावलों समजना
तनां– मनां शेणल्यो वेदना
एकसूरपण सावरना

दोळ्यां देगो वल्यो वल्यो
दूक मात खंयच ना
काळजाक म्हज्या घायच घाय
वखद सोदून मेळना

मळबा पेल्यान यादी तुज्यो
म्हजेंच मळब सापडना
रेवेंतुल्यो सावळ्यो आमच्यो
आतां वतूच पडना

***

सायलन्स प्लीज

सदांच भितर
"सायलन्स प्लीज"
बरयल्लें वाचतां
हांव ओग्गी रावतां
आज्ञा पाळटां
पूण पुस्तकां वाचतां वाचतां
पुस्तकां घरांतल्यान
येवपी आवाज
म्हजेर थोमणे मारीत हांसता
म्हणटा,
"वाचपाक जाता मूं?"

* * *

मोगा रुखाची तेंगशी

मोगा रुखाची तेंगशी
आयज परत किल्लल्या
आयक आयक आयक मोगा
प्रीत तुजी चंवरल्या

मोगा म्हज्या काळजाचीं
पिपळां पानां जायत गेल्यांत
पिपळां पानार शेवण्या तुवें
घोंटेर बरे सजयल्यात...

सांग मोगा केन्ना तरी
घोंटेर सगळे भरतले
घोंटेरांची अपुरबाय
तूं गो केन्ना करतलें?

***

पाळां

तुवें दिल्लें रोपलें
हांवें म्हज्या
काळजांत रोयलें
रोखडींच
पाळांय फुटलीं
मागीर काळीजभर
पातळ्ळीं
आतां तींच पाळां
म्हज्या काळजाक
पीळ घालतात

***

नव्या वर्सा सावन

चिंतिल्लें,
नव्या वर्सा सावन
केल्ल्यो चुकी सुदारतलों
सगळें वायट विसरतलों
पूण...
तुवेंच त्यो नाका जाल्ल्यो यादी
परत्यो ताज्यो करून दिल्यो
आतां त्योच यादी
मेंदवांत चड नाचूंक लागल्यात
तूं तुज्या थोमण्यांचो नाद
मात्सो वेळ थांबोवन पळय
म्हज्यांतलें वायट थकतलें
ताल चुकतले
हांव सुदारतलों

***

येवकार गीत

तृप्तीचीं उतरां घेवन
आयल्या येवकाराक तुमच्या ॥धृ॥

शेवण्या सुकण्या चिंवचिंवाटान
तुमचें स्वागत आयज करता
कवन–पिशें फुलार काळीज
मोग तुमचेर शिंपडायता
अस्मिताय राखतना
स्वागत तुमचें करतना ॥1॥

शब्दुल्यांची भास मनां
आयलीं तना गायतना
ओंठार हांसो फुलता पळय
झिरंगे कळें फुलतना
अस्मिताय राखतना
स्वागत तुमचें करतना ॥2॥

उमाळ्यांचे बोल आमचे
ओंठार आयज येवचे आसात
तुमचें स्वागत करतना
काळजा दार भरचें आसा
अस्मिताय राखतना
स्वागत तुमचें करतना ॥3॥

***

यादी

मिठा सारखिल्ल्यो
जिणेक चव दिवपी
तुज्यो यादी
हांवें काळजा कण्णेंत
धांपल्यात...
आतां तेंच मीठ
काळजाक
हुलप दिवपी जालां
तरीय हांवें
त्योच यादी मागल्यात...

***

गोंयकार

हतयाच्या बळा परस
बळिश्ट रे गोंयकार ते
जाणी क्रांतीची जोत पेटोवन
दिलें आमकां गोंय हें

***

तूं गेल्ल्याक

तूं गेल्ल्याक
पाखां पिसूंडल्यांत
हावेसाचीं
आत्मबळाचीं
विश्वासाचीं

उतरा उतराक
मेळिल्ल्यो त्यो जापो
आतां आदन
खतखतिल्लेवरी
काळजार
ओतूंक लागल्यात
काळीज भाजत
तूं गेल्ल्याक..

* * *

हांवें फक्त मोग केलो

हांवे मोग केलो
मनशाचो, मनीसपणाचो
जात धर्म पळयलो ना

कोण हिंदू
कोण क्रिस्तांव
कोण मुसलमान
म्हाका कसलोच
फरक पडलो ना
हांवें फक्त मोग केलो
जात–धर्म पळयलो ना

काल बिरयाणी विकती घेतना
त्या चाचाचें खाड
म्हाका मातूय भंयाण दिसलें ना
अंकलागेर जेवतना
बाटपाचो हुस्को जालो ना
हांवे फक्त मोग केलो
जात–धर्म पळयलो ना

इगर्जेंतलें आल्मेथ पिवन
मशिदेचो हुंबरो हुंपून
हांव मात अजून बाटलों ना
बाटलो फक्त अहंकार
वायट कांयच उरलें ना
हांवें फक्त मोग केलो
मनशाचो, मनीसपणाचो
जात–धर्म पळयलो ना

***

तूं... म्हजे खातीर

तूं अमृताची धार
म्हजे खातीर
हांव विखा भार
तुजे खातीर...
तूं जगूं शें जिवीत
म्हजे खातीर
हांव मरणा रीत
तुजे खातीर...

***

उलो

शिरंतरांनी व्हांवपी रगत माये
तुज्याच पांया दिकेन धांवता
दिश्टाव्याची भेट घेवंक माये
हांव तुज्याच उल्याक रावतां

***

मळबा पेल्यान...

मळबा पेल्यान...
तुज्यो यादी उडल्यात
आतां मात दमट जाल्या
काय सांज जाल्या
कांयच कळना
शेवणीं घरा परतलीं
तुजी मात जाग ना
दमट जाल्या
काय सांज जाल्या
कांयच कळना

***

ग्रॅण्ड मदर्स डे

बायून काल नवो
फोन घेतला
'आय फोन' खंय
तें सांगता,

"म्हातारे, आयज
ग्रॅण्ड मदर्स डे,
सॅल्फी जाय"
पुनवेचो चंद्रीम
म्हज्या गालाक तेंकलो

नयनांनी मळब दाटलें
म्हज्या
गाला वयले तेज आटलें
ताच्या

"डिजगस्टींग"
परतो तेत्तीस!
हांव वाट पळयतां
फुडलो 'ग्रॅण्ड मदर्स डे'
केन्ना काय येतलो?

***

म्हजी नसाय

एक काम कर
म्हजें मात्शें आयक
म्हाका तुजी नसाय जाता
हांवें इतलें करून
म्हाका कांय
कांयच मेळ्ळें ना
हाची सुलूस जातकच
स्वताचीच तिडक येता
खरें म्हळ्यार हांव भितां
आमच्या नात्याची परिस्थिती पळोवन
जाता जाल्यार समजून घे
म्हजीन साय.

***

सपन

सकाळीं उठूंक आलार्म नाका
आवय तुजोच उलो जाय
हॉटेलांतली ती भाजी नाका
तुज्याच हातची च्या जाय
तुमचें मत वेगळें आसत
म्हाका मात हेंच जाय

केंश्ट्यो तुज्यो, विणयो तुज्यो
म्हाकाय भयणी ओडूंक जाय
गुलाबाची पाकळी कशी
कांटो जावन तुका जपूंक जाय
तुमचें मत वेगळें आसत
म्हाका मात हेंच जाय

चडूच मस्ती केल्यार बाबा
म्हाका तुजो मार जाय
ओंवळीचो सुगंध जसो
तसोच घरांत तुजो भंय जाय
तुमचें मत वेगळें आसत
म्हाका मात हेंच जाय

रात–दीस कुयेली मारूंक
भावा तुजो सांगात जाय
सत्याची वाट दाखोवंक
तूंच म्हजो राम जाल्लो जाय
तुमचें मत वेगळें आसत
म्हाका मात हेंच जाय

आवय–बापूय भाव–भयण
जिणेंत म्हजे आयिल्लीं जाय
अनाथाचें सपन हें देवा
तुजे विणें कोण समजत काय
मोबायल गाडी कांयच नाका
म्हजींच म्हाका मेळत काय?

***

तो

हांवें मागिल्लें सगळें
ताच्याच पांयां कडेन दवरलां
तो पळोवन घेतलो
कोणाक कितलें मेळपाक जाय
तेंय तोच भागोवन दितलो

***

वारो

हांव रस्त्याक
फाट करून बसलां
मुखार शेत आसा
पडींग पडलां
शेतांतल्यान मात
वारो बरोच धांव मारता
रस्त्याक हात लायता
हुप्प करून उडी मारता
आनी रस्तो हुपून
पलतडीं आशिल्ल्या शेतांतल्यान
पयस गांवांत धांवसो मारता
हांव मात ताची उडी पळोवपाक
रेफ्री जावन बशिल्लो आसां
बसून वाऱ्याची
सगळी मजा पळयतां
आनी तो बिनधास्त
म्हजें मन रिझयता

***

म्हजें–तुजें

म्हजें–तुजें
उतर गोंयचें
जिवीत गोंयचें
जगप गोंयचें
म्हजें–तुजें
सपन गोंयचें

* * *

तुवें

तुवें म्हज्या
मोन्या उतरांक कान दिल्यात
म्हज्या वेदनांक
संवेदनांक देवणें दिलां
तुजे मांडयेर बसून
हांव त्यो सुखा–दुख्खाच्यो
यादी जगत आयलां
इतलेंच न्हय
तुवें म्हाका हांव दिला

***

चार वळी

व्याजोक्ती पळयात
आयच्या दिसा मात
कविता सुचली ना म्हणून
यमकां, मिथकां, प्रतिकां सोडून
ह्यो चार वळी
कवितेच्या नांवान बळी

***

नरकासूर

हांव नरकासूर करपाचे
भानगडींत पडना
आसात तितलेच पुरो
जळोवपाची गरजूच ना
आपुणूच जळटात

***

मंत्र

मंत्र मंत्र मंत्र
मंत्र विचित्र
कशें काडुंये चित्र
हो मंत्र विचित्र
विचित्र...

दुबळ्यांक फातर
मागीर ताचें तांणी
शीत करूं नाजाल्यार
साकरभात करून खावं
तूं मात बस पदार
फक्त बडायो मार
मंत्र मंत्र मंत्र
हो मंत्र विचित्र
विचित्र...

आतां रोखडीच वेंचणूक जातली
मतां जाय, मतां जाय
लोकांचे हुंबरे चाटूंक जाय
खुर्ची आडोवन दवरपा खातीर
आतां मात उठूंक जाय
दारा दारांत घणसाबैल जावन
तकली हालयत भोवूंक जाय
मंत्र मंत्र मंत्र
हो मंत्र विचित्र...

कितलीं खातीं?
कितले आसात पयशे तुजे?
सगळें तयार दवरूंक जाय
मतां विकत घेवचे खातीर
लोकांक कामाक लावंक जाय
तूं मात बस पदार
फक्त बडायो मार
आरे मंत्र मंत्र मंत्र
हो मंत्र विचित्र...

बाकीबाब म्हणी
घरचे भेदी भायले चोर
हांव म्हणन
हेच ते भेदी हेच ते चोर
लोकां मदीं झगडीं झुजां
कितेंय जावं
तूं मात बस पदार
फक्त बडायो मार
आरे मंत्र मंत्र मंत्र
हो मंत्र विचित्र...

इस्त्री मार कपडे घाल
काम जायसर लोकांकूय
तसोच कडयत राव
मतां मेळ्ळीं जिखून आयलो
आतां, "कोण रे तुमी?
भायरूच राव."
तूं मात बस पदार
फक्त बडायो मार
आरे! मंत्र मंत्र मंत्र
हो मंत्र विचित्र...

तो मेलो, ती मेली, ते मेले
कोण कोण मरत आसा
तूं म्हाका कितें कर म्हणटा?
हांव मरूं?
अशें तुजें वागप
तूं मात बस पदार
फक्त बडायो मार
सांगिल्लें मंत्र मंत्र मंत्र
हो मंत्र विचित्र...

तातूंत एकलो एकलव्य
राजकारणाचे रणभुमींत
सत्यनिश्ठेची धनुर्विद्या
घेवन देंवलो...
खचाक! तोंच फसलो
मंत्र मंत्र मंत्र
हो मंत्र विचित्र...

***

यादी

कितलेशेच खीण
एक जीण
आनी बरोबर
सारिल्ल्यो
असंख्य यादी...

कितलीशींच तुमी
फोटवांत कमी
पूण काळजांत
क्लीक जाल्ल्यो
असंख्य यादी...

कितल्याश्योच
पापण्यो
वल्यो दुखण्यो
सुखावल्ल्यो
असंख्य यादी...

* * *

नातें

कृष्णाचें,
अर्जून
सुदामा
द्रौपदी बरोबर
आशिल्लें
इश्टागतीचें नातें
तशेंच म्हजें–तुजें
तुमचे विणें
जिवीत रितें
फकत वजें,
फकत वजें!

***

वेदना

हांवें
तुज्यो वेदना
समजुच्यो
तुका दिसता...
आनी म्हज्यो?
तूं मात
खोर्नार भाजता

***

हुस्को

तूं जाणा
तें मेल्लें झाड
आतां केन्नाच
जितें जावचें ना
तरीय तींच नाटकां
कित्याक?

त्या झाडाक
केन्ना आमच्या मोगाचें
फळ धरिल्लें
ताच्याच बियांतल्यान
परतो मोग कोंबरेत काय?
होच हुस्को

***

गीत

गीत गायतां, गायतां गीत
आमच्या जैताचें
हुकूमशायेच्या पांजऱ्या भितरल्यान
मुक्त जावपी गोंयचें

वाळवंटी, म्हादय माय
जुवारी आनी मांडवी
सूर तालांचें गीत गावपी
घसघसो तो दूदसागर

क्रिस्ती, मुसलमान, हिंदू आमी
रगत एक सारकें
शेकान–शेक उकत्या मळ्यांक
रुजवण घामाची

वयीले दोंगरी
कवाळी कुंवाळी गे
न्हंये–देगच्या कुळागरांत
माड–माडयो सुपारी गे

तांबडे मातयेंत भरिल्लें
सोबीत गोंय आमचें
आंबे, पणस, काजू हेंच
आमचें पोटकाणें

गीत गायतां गायतां गीत
आमच्या काळजाचें
मनीसपणाच्या मुखामळाचें
हांशें हें गोंयचें

***

नकळत

नकळत
तो बदलतलो
पयस वतलो
मागीर यादी
फकत यादी
आनी यादी...

***

माळी

तुज्या बाबान म्हळें,
"ही बागेंतली कळी"
तेन्ना हांवेंय आईक म्हळें.
"हांवूय तेच बागेंतलो माळी!"

***

पाशाणी पौरुश

पाशाणांलो देव तो
पाशाणीच उरतलो!
तुवें केल्ल्यो चुकी मनशा
तो कित्याक सुदारतलो?

आरे वा! आतां कसो उलयलो
पाशाण न्ही, देव तो!
होच भावार्थ निलाजऱ्या
जनावर जातना तुवें खंय शेणयल्लो?

मनांत काव्य फुटचे आदीं
दिसलें, मेल्यो सगळ्यो संवेदना!
हें सगळें जाल्या उपरांतच काय
दुखावतात म्हज्योय भावना?

कळी न्ही चली तें, फूल न्ही मनीस तें
फातरा–काळजाचो तूं मनीस रे!
करणी थूं! आनी वर्चस्वाचें
कसलें तुजें पाशाणी पौरुश हें?

***

नियाळ

कितलें हांवें घेतलें पचोवन
हाचो प्रश्न ना गा!
पोखेल्लें कितलें भरचें आसा
हाचो नियाळ मेळ्ळो हांगा

***

हट्‌ट

तुवें फकत हट्‌ट केलो
कितें जालें?
म्हाका सांग
आयज तेंय करून पळयलें
खीण भर दिसलें
इतलो तेंप
कळशेंतल्या उदकांत व्हांवत
म्हूण भियेतालों
आतां दर्या वाट पळयतां

***

अठरा जून

शांत शितळ दर्या ल्हारां
केन्ना तरी कोसळटलीं
अदमासूच नाशिल्लो
बाबत कुळां गोंयचीं फुलां
विखाळ केन्ना
जातलीं म्हणपाचें
भानूच कोणाक नाशिल्लें

मेंगे, भित्रे
सामके पेज
गोंयकारूय उठ्ठले,
भगभगत्या इंगळ्यावरी
तांबडेगुंज पेट्टले
अदमासूच नाशिल्लो
गुलामीच्यो पोवट्यो सोडून
क्रांती लेगीत करतले म्हणपाचें
भानूच कोणाक नाशिल्लें

केन्ना तरी कशोय तरी
जयहिंदाच्यो घोशणां
हड्ड्यां भितर रिगतल्यो
स्वाभिमानान जगतल्यो
अदमासूच नाशिल्लो
म्हज्या गोंयच्या इतिहासांत
अठरा जून रंगतलो
म्हजे सारको तुकलो आयज
क्रांतीकाणी सांगलो
भानूच कोणाक नाशिल्लें

***

रात

परत तुजी याद आयली
कुस परतिली
पापणेक पापणी तेंकयली
मनांतली याद
काळजांत वसयली
एकसूरपणांत रात सारली

***

अमुरपिकी

नश्टो झोपय मार नाका
अमुरपिकी चिंच ती
म्हयनो तरी वतलो पुता
वयार अजून येवना ती..

***

सात पावलां फुडें म्हज्या

सात पावलां फुडें म्हज्या
चलता म्हजें ध्येय रे
दिश्टाव्याचीं सपनां साकार करूंक
चल्ल्या म्हजी धडपड रे...

घामा विरयत, कश्ट करीत
जिवूय मात्सो थकला रे
कश्ट फाल्स जावचें ना
आसा इतलो विश्वास रे...
कारण...
सात पावलां फुडें म्हज्या
चलता म्हजें ध्येय रे...

यशाचीं जायत दारां
उकतीं आतां सासणाक रे
कश्टाचें फळ मेळत म्हाका
रामाक जशी शबरी बोरां रे...
कारण...
सात पावलां फुडें म्हज्या
चलता म्हजें ध्येय रे...

दिश्टाव्याचीं सपनां साकार करूंक
चल्ल्या म्हजी धडपड रे...

* * *

तुज्या मोगान

म्हाका दर्याचो
भंय दिसना
बुडलों जाल्यार
तुज्या मोगान

ल्हारांत भिजलो
म्हण कांय ना
सोसन ओलसाण
तुज्या मोगान

***

उतर

आतां नाका हांव
पूण आयक
तुजे जिणेंत जर
काळखी रात
आयली जाल्यार
म्हजी याद कर
चान्नें जावन
काजुलो जावन
वात–मेणवात जावन
तुजे जिणेंतलो
काळोख पयसावपाक
हांव येतलों
उतर म्हजें

***

परी

कितल्यो म्हूण वेदना
सोसच्यो हांवें
तुज्या म्हज्या नात्या खातीर
सर्गांतली परी नाका
निदान जिणेंतली तरी जावन
यो आतां म्हजे खातीर

***

म्हाका असो गांव जाय

पावळेक म्हज्या तुजी सासाय
म्हाका असो गांव जाय ॥धृ॥

पाटणांतल्यान गळपी उदकाक आतां
चुट्टां पनेळाची वाट जाय ॥1॥

म्हामायेचे जात्रेक, बकरी ईदाक
फेस्ताक वचूंक जाय ॥2॥

आलतडचें तारूं, पलतडचे तडी
तारयाचीं गितां गाय ॥3॥

न्हंयचो घसघस, ओंवळीचो रसरस
पणसुलां काजी जाय ॥4॥

उकत्यां मळ्यांनी, माडां दोक्यांनी
भुरगेपण मिरोवंक जाय ॥5॥

नुस्तें गरोवंक, सुंगटां पागोवंक
मानशेर धांवूंक जाय ॥6॥

शिंपयेतलें मोती असो शेजारी
पावलां कणकणी जाय ॥7॥

गरजेक म्हज्या तुजी सासाय
काळजाक म्हज्या तुजी खोलाय ॥8॥

मनीसपणाची तुजी सोबाय
म्हाका असो गांव जाय ॥9॥

***

आमचो मोग

उदकाचो थेंब जसो
आळवा पानार
उतर तुजें
म्हज्या कानार
सुचतां सुचतां मन
नाचता तालार
आमची काणी
म्होंवाळ तोंडार
आमचो मोग
फुलता फोनार

***

केन्ना तरी

केन्ना तरी सकाळ उदेतली
एकचाराची, आपलेपणाची
धर्माच्या नांवान, जातीच्या नांवान
शिंपडचे ना गा वेगळ्या भावान

तांबडेंच रगत तुजें आनी म्हजें
कसलें पिशें तुज्या मनाचें
दुसरो असो कोणूच ना गा
कित्याक वजें वेगळ्याचाराचें

वेगळ्या प्रांताचे आसले तरी
स्वास हो मनीसपणाचो
भास– संस्कृती वेगळी जरी
तोंडार समान हांसो आमचो

***

यादी

आमोरेच्यो
यादी अश्यो
धव्यो..
काळ्यो..

तुज्यो आनी
म्हज्यो..
रूप रंगयाळ्यो...

✵ ✵ ✵

तूं

तूं हरंधारीचो
काय शिरंतराचो
हांव नकळ
जावं कितेंय
जावं कसोय
तूं रक म्हजेर

***

म्हाका देशाचें फीत...

समानतायेचें, स्वातंत्र्याचें, लोकशायेचें
आयज गायतां गीत
संविधानाची आनीक एक पायरी चडटना
म्हाकाय देशा आयज तुजेंच फीत...

जात – पात – कात धर्म
पांयां पोंदा वायट कर्म
अन्यायाचे वाटेर देशा
तुजेच सासायेचें सुकर्म
समानतायेचें, स्वातंत्र्याचें, लोकशायेचें
आयज गायतां गीत
म्हाकाय देशा आयज तुजेंच फीत...

क्रिस्ती, हिंदू, मोयर कोण?
आमचे आमीच दुसरो कोण?
कोंकणी कुराण, उर्दू गितां
रचून मराठी क्रिस्तपुराण
दाखयलें आमचे भाव कोण...
समानतायेचें, स्वातंत्र्याचें, लोकशायेचें
आयज गायतां गीत
म्हाकाय देशा आयज तुजेंच फीत...

जाणा हांव, प्रस्न तुका करचो आसा
हात उबारून तुकाय कितें विचारचें आसा
अन्याय – अत्याचाराचेर म्हजें कितें मत आसा
भ्रश्टाचाराचेर म्हाका कितें म्हणचें आसा
आयक भावा, सांगतां तुका

उलोवन कांयच जावचें ना...
हांवे – तुवें मेळून आतां,
खूब कितें करचें आसा
व्हड कितें येवचें आसा...

***

गोविंद नारायण मोपकार

गिरी, बार्देस – गोंय.

8550909847

- 16 जुलय 1998 वर्सा जल्म.
- धावी मेरेनचें शिक्षण गिरीच्या सेंट एन्थनीज स्कुलांत जाले उपरांत म्हापशेंच्या सेंट झेवियर्स उच्च माध्यमीक विद्यालयांत, कला शाखेंत बारावी मेरेनचें शिक्षण.
- सेंट झेवियर्स महाविद्यालयांतल्यान कोंकणी आनी मानसशास्त्र ह्या विशयांनी कला शाखेची पदवी.
- सध्याक डॅक्कन कॉलेज, पदव्युत्तर आनी संशोधन संस्था, अभिमत विद्यापीठ, पुणे हांगा भासविज्ञान ह्या विशयांत पदव्युत्तराचें शिक्षण घेता.
- ल्हानपणा सावन साहित्य लेखन आनी वाचनाची आवड.
- कोंकणी तशेंच हिंदी ह्या भासांनी लेखन.
- कविते वांगडाच निबंद, कथा, प्रवास वर्णनां, नाटकुलीं ह्या साहित्य प्रकारांनीय लेखन करता.
- अखील गोंय तशेंच अखील भारतीय कोंकणी कविता वाचन आनी कविता लेखन सर्तींनी वांटेकार जावन इनामां मेळयल्यांत.
- गोंयांत आनी गोंया भायर जावपी कवी संमेलनांनी आनी साहित्य संमेलनांनी कविता सादर केल्यात.
- सांस्कृतीक कार्यावळींनी वांटो घेवपाची तशेंच अभिनय आनी सुत्रसंचालनाची भोव आवड.
- युवा आदान–प्रदान शिबीर, पूर्व गणतंत्र दीस परेड शिबीर (प्री. आर. डी. परेड कॅंप) सारकिल्ल्या राष्ट्रीय शिबिरांनी राष्ट्रीय सेवा येवजण, तशेंच नेहरू युवा केंद्रां वरवीं वेंचणूक जावन, राष्ट्रीय पांवड्यार गोंयचें प्रतिनिधित्व केलां.

ISBN_978-93-5408-287-0

9 789354 082870

मोल : ₹ 120/-

मेघर्ष प्रकाशन

गिरी, बार्देस – गोंय.